Panaji

राश्ट्रीय खबरो

3 सप्टेंबर 2026, सांजेची 6.30 वरां

भारत आनी बेल्जियम फुडल्या ५ वर्सांत द्विपक्षीय वेपार दुपेटीन करपाक सहमत जाला. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीं बेल्जियमाचे प्रधानमंत्री बार्ट दी वेवर हांचे कडेन आयज नवी दिल्लीत चर्चा साधली. दोनूय फुडाऱ्यांनी द्विपक्षीय संबंदांच्या पुराय व्याप्तीचेर तशेंच परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर चर्चा केली.

भारत आनी बेल्जियमान आयज संरक्षण सहकार्याचें आशयपत्र आनी नवीकरणीय ऊर्जा, सायबर गुन्यांवकारी आनी राजनयीक प्रशिक्षण ह्या मळावेल्या समजुकायेच्या करारां सयत वेगवेगळया करारांचें दिवप घेवप केलें.

संवसार सध्या व्हड उलथा-पालथीच्या पावंड्यांतल्यान वता आनी संवसाराच्या कित्तेक भागांनीं संघर्षाची परिस्थिती सुरू आसा अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी जारी केल्ल्या प्रसिद्धी पत्रकात नमूद केलां. अन्न, इंधन वा पुरवण साखळयो अशा दरेक मळार अनिश्चिततायेचो परिणाम जायत आशिल्ल्यांचे प्रधानमंत्र्यांनी म्हळां.

मजगतीं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी तांचे बेल्जियमाचे समपदस्थ बार्ट डी वेवर हांणी आतंकवादाक तोंड दिवपाक सर्वसमावेशक आनी संवसारीक दृष्टिकोन स्वीकारपा बाबतींतली आपली वचनबद्धताय उक्तायल्या.

तशेंच, आतंकवादाचें कसलेंच स्वरूप आसूं वा तें खंयचरूय घडिल्ले आसूं ताचें समर्थन कशेंच जावंक शकनां अशें स्पश्ट करीत तांणी आंतरराष्ट्रीय कायद्या प्रमाण दहशतवाद्यांक जवाबदार धरपाचो उलो मारला.

दोनूय फुडाऱ्यां मदल्या चर्चे उपरांत जारी केल्ल्या भारत-बेल्जियम जोड निवेदनांत हे गजालीचेर उजवाड घातला.

सीमे भायर आतंकवादा सयत आतंकवादा विरोधांतल्या लढ्यांत भारता वांगडा बेल्जियमाची एकता आशिल्ल्याचें प्रधानमंत्री वेवर हांणी सांगलां.

संरक्षण  मंत्री राजनाथ सिंग आनी  बेल्जियमाचे संरक्षण मंत्री थियो फ्रैंकन हांणी संवाद साधलो. उचेल्या स्तरावेली भेट आनी क्षमता निर्मणेच्या माध्यमांतल्यान द्विपक्षीय संरक्षण संबंद वाडोवपाक वचनबद्ध आशिल्ल्याचें तांणी म्हळां.
संवसार सध्या भू-राजकीय आणि अर्थिक अस्थिरतेच्या काळातल्यान वता  अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी सांगलें. आनी तांणी ह्या आव्हानांक तोंड दिवपाचे गरजेचेर भर दिलो.

भारत आनी बेल्जियमाची इश्टागत मुखार व्हरपाचेर बेल्जियमाचे संरक्षण मंत्री थियो फ्रॅंकेन हांणी भर दिलो.

बिहारांत पटणां आनी हेर कितल्याशाच जिल्ह्यांनी गंगेच्या उदकाची पातळी सेगीत वाडत आसा. हाका लागून नव्या वाठारांनी हुंवाराचो धोको वाडला.

गंगेची वाडट्या उदकाची पातळी पळोवन आपत्ती वेवस्थापन विभागान शिटकावणी दिल्ल्याची म्हायती आकाशवाणीच्या खबराकारान दिल्या.

भारतीय हवामान विभागान फाल्यां उदेंत मध्य प्रदेशांत उटंगरांच्या पावसाची शिटकावणी दीत ऑरेंज अलर्ट जारी केला.

फाल्यां बिहार, उदेंत राजस्थान, उप हिमालयीन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, उत्तराखंड आनी मध्य प्रदेशांत गडगड आनी जोगलां सयत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

बायलांच्या क्रिकेट  टी-२० आशिया कप सर्तींत अ गटांतल्या  दुसऱ्या खेळांत भारताचो पंगड आय़ज संयुक्त अरब अमिरातींतल्या   दुबय आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर हॉंग कॉंगा वांगडा खेळटलो.

हो खेळ भारतीय वेळे प्रमाण रातच्या ८ वरांचेर  सुरू जातलो.